गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस ,ब्लॉक 'सी', पयलो माळो, दादा वैद्य रोड– गोंय ,पणजी , 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

जायरात क्रमांक 12, वर्स 2022

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात. अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 23.12.2022 आसा. ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाचच्यो.

2. वेवसायीक महाविद्यालयां, भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार आनी वरिश्ठ तंत्रिकी विज्ञानीक पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, **"सुचोवण्यांत"** नमुद केल्ल्या प्रमाणें मुलाखतीक आपोवंक, आयोग उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतलो.

I. वीज खातें

मुख्य वीज अभियंतो, प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून (अल्पकालीन करारा सयत).....1 पद
(अन-आरक्षीत) (3 रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 37,400-67,000 + ग्रेड पे रू .8,700/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 13 प्रमाणें)

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय-

आवश्यक – (i) वीज अभियांत्रिकीची पदवी धारण केल्ले वा किमान 5 वर्सां नियमीत सेवे सयत अधीक्षक अभियंतो वा अनुरूप श्रेणींतलें समान पद धारण केल्ले वीज क्षेत्रा कडेन संबंदीत केंद्र सरकार/केंद्रीय भौशीक क्षेत्राच्या उपक्रमांचे अधिकारी वा वीज वितरणा कडेन संबंदीत राज्य सरकार/केंद्र शासीत प्रदेश/राज्य वीज मंडळ/राज्य भौशीक क्षेत्रांतल्या उपक्रमांचे अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी सादारपणान 4 वर्सां परस चड आसचो ना).

II. भौशीक भलायकी खातें

ए. गोंय दांत महाविद्यालय आनी हॉस्पिटल

व्याख्याते :

i) प्रोस्थोडॉण्टिक्स ऍण्ड क्राऩ्न ऍण्ड ब्रीज (Prosthodontics and Crown and Bridge) ....2 पदां
(1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आनी 1 पद हेर मागास वर्गिया खातीर आरक्षीत) (6 वे फावटी)

ii) ओरल पॅथोलॉजी आनी मायक्रोबायलॉजी (Oral pathology and microbiology) ....1 पद (हेर मागास वर्गिया खातीर आरक्षीत) (9 वे फावटी)

iii) पब्लीक हॅल्थ डॅण्टिस्ट्री (Public Health Dentistry).....1 पद (हेर मागास वर्गिया खातीर आरक्षीत) (7 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+ 5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

पिराय- 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक- (i) दांत चिकित्सा कायदो 1948 चे (1948 चो 16) वळेरींतल्या भाग I आनी भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– (i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग / दांत संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान.

<u>बी. गोंय वैजकी महाविद्यालय</u>

1.नेर्वांशास्त्रांत सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in Neurology) .... 2 पदां (अन-आरक्षीत) (12 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी वा तत्सम. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी (डी.ऍम)/ मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम.सीऍच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो एक वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकी पदवी (डी.ऍम.) /मास्टर ऑफ चिरूरजिया (ऍम.सीऍच.) च्या उमेदवारांक अणभवाची आवश्यकता आसची ना.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– मराठीचें गिन्यान.

2. व्याख्याते

(i) विकिरणशास्त्र (Radiology) ... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (10 वे फावटी)

(ii) सर्जरी (Surgery) .... 4 पदां (2 पदां हेर मागास वर्गियां खातीर, 2 पदां अनुसुचीत जमाती) [1 -हेर मागास वर्गियां खातीर 10 वे फावटी, 1- हेर मागास वर्गियां खातीर आनी 2 अनुसुचीत जमाती खातीरचीं पदां 5 वे फावटी]

(iii) बालरोग चिकित्सक (Paediatric Surgery) ....1 पद (अन-आरक्षीत) (8 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय- 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक- (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत वा तत्सम वैजकीय पात्रतायेंत पदव्युत्तर पदविका. (iii) मान्यताय प्राप्त दांत महाविद्यालय / वैजकी महाविद्यालय जंय दांत विभाग/ दांत संस्था आसा, तातूंत निबंधक / अनुशिक्षक (Tutor)/ वरिश्ठ निवासी / निदर्शक म्हूण डॅण्टिस्ट्रीच्या संबंदीत विशेशतायेंत 3 वर्सां शिकोवपाचो अणभव आसूंक जाय.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक :– मराठीचें गिन्यान.

3. सहाय्यक प्राध्यापक (Assistant Professor in) -

(i) मूत्रविज्ञान (Urology) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (5 वे फावटी)

(ii) मॅडीकल ऑन्कोलॉजी (Medical Oncology) ..... 1 पद (अन-आरक्षीत) (5 वे फावटी)

(iii) नेर्वां शस्त्रक्रिया (Neurosurgery) .....1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (5 वे फावटी)

(iv) कार्डिओ वॅस्क्यूलर आनी थोरॅसिक सर्जरी (Cardio Vascular and Thoracic Surgery) ..... 2 पदां (1-अन-आरक्षीत,1 हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (5 वे फावटी)

(v) बाळरोग चिकित्सक (Paediatric Surgery) ....2 पदां (1 हेर मागास वर्गियां खातीर, 1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (5 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600- 39,100 + 6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय - 45 वर्सां परस उणी

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) चे पयले वा दुसरे वळेरींत वा तिसरे वळेरीच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसऱ्या परिशिश्टाच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय आशिल्ल्यांनी भारतीय वैजकी मंडळ कायदो, 1956 (1956 चो कायदो क्र. 102) च्या कलम 13 पोट-कलम (3) त दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) राष्ट्रीय वैजकी आयोग (आदींचें भारताचें वैजकी मंडळ) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय / संस्थे कडल्यान संबंदीत खासा विशेशतायेंत वा तत्सम हातूंतल्यान पदव्युत्तर पदवी. (iii) मान्यताय प्राप्त वैजकी महाविद्यालय/ वैजकी पदवी (डी.ऍम)/मास्टर ऑफ चिरूर्जिया (ऍम.सीऍच) ची पात्रताय पदवी मेळयल्या उपरांत वैजकी महाविद्यालय/ शिक्षणीक संस्थेंत खासा- विशेशतायेच्या विशयांत उण्यांत उणो 1 वर्स शिकोवपाचो/ संशोधनाचो अणभव आसूंक जाय.

टीपः तीन वर्सां कालावधीची वैजकीय पदवी (डी.ऍम.) / मास्टर ऑफ चिरूर्जिया (ऍम.सीऍच.) च्या उमेदवारांक अणभवाची आवश्यकता आसची ना.

(iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक:– मराठीचें गिन्यान.

III. गोंय पुलीस खातें

1. फिंगर प्रिण्ट ब्युरो खातीर पयलो तज्ञ, प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून (First Expert for Finger Print Bureau, by Trasfer on Deputatuon) ..... 1 पद (अन-आरक्षीत) (4 थे फावटी)

वेतन श्रेणीः रू. 44,900 – रू 1,42, 400/- (वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें)

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) खंयच्याय राज्य / केंद्रांत फिंगर प्रिण्ट ब्युरोंत अनुरूप पदाचेर आशिल्ले अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना.)

2. फिंगर प्रिण्ट ब्युरो खातीर दुसरो तज्ञ, प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून (Second Expert for Finger Print Bureau, by Transfer on Deputation) ..... 1 पद (अन-आरक्षीत) (4 थे फावटी)

वेतन श्रेणीः रू. 35,400 - रू. 1,12, 400/- (वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें)

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) खंयच्याय राज्य / केंद्रांत फिंगर प्रिण्ट ब्युरोंत अनुरूप पदाचेर आशिल्ले अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना)

3. विज्ञानीक अधिकारी, प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून ..... 5 पदां (अन-आरक्षीत)

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) खंयच्याय राज्य / केंद्रीय फॉरॅन्सीक विज्ञान प्रयोगशाळेंत अनुरूप पदाचेर आशिल्ले अधिकारी (प्रतिनियुक्तीचो कालावधी 3 वर्सां परस चड आसूंक जायना)

4. फॉरेन्सिक विज्ञान प्रयोगशाळेंत विखचिकित्सा, रसायनशास्त्र आनी घुंवळी वखदां हांतून विज्ञानीक सहाय्यक (Scientific Assistant in Forensic Science Laboratory in Toxicology, Chemistry and Narcotics) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (3 रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 35,400-1,12,400/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 6 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (I) सकयल दिल्ल्या तक्त्यांतल्या कॉलम (अ) तल्या अनु. क्र. 1 पदा खातीर संबंदीत तकट्याचो कॉलम (बी) त नमूद केल्ले प्रमाणें संबंदीत विशेशतायेंतल्यान मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान विज्ञान फांट्यांतल्यान उण्यांत उणी द्वितीय श्रेणींतली पदवी.

अनु. क्र.	पद (अ) वैज्ञानीक सहाय्यक	विशेशताय (ब)
1.	विखचिकित्सा, रसायनशास्त्र आनी घुंवळी वखदां (Toxicology, Chemistry and Narcotics)	रसायनशास्त्र /फॉरेन्सिक विज्ञान

(iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक : (I) संगणक साक्षर आसूंक जाय. (ii) मराठीचें गिन्यान.

IV. कौशल्य विकास आनी उद्देजकताय संचालनालय

प्राचार्य कनिश्ठ श्रेणी/सहाय्यक प्रशिक्षणार्थी सल्लागार/सहाय्यक परिक्षा नियंत्रक (Principal Junior Scale/Assistant Apprenticeship Advisor/ Assistant Controller of Examination)..... 1पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (2 रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 9,300-34,800+4,800/- (पूर्व सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 8 प्रमाणें)
पिराय- 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान अभियांत्रिकी पदवी (ii) 5 वर्सांचो वेव्हारीक अणभव, तातूंतली 2 वर्सां प्रशासनांत वा मानव संसाधन वेवस्थापनांत आसूंक जाय. (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक : मराठीचें गिन्यान.

V. उच्च शिक्षण संचालनालय

सरकारी महाविद्यालय

सहाय्यक प्राध्यापक : (Assistant Professor in)

(I) प्राणीशास्त्र (Zoology) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गीय) (3 रे फावटी)

(ii) इंग्लीश (English) ..... **3 पदां (2- हेर मागास वर्गीयां खातीर, 1 पद अनुसुचीत जमाती खातीर) (3 रे फावटी)**

(iii) राज्यशास्त्र (Political Science) ..... 2 पदां (हेर मागास वर्गीय) (3 रे फावटी)

(iv) कोंकणी (Konkani) ..... 2 पदां (1 - हेर मागास वर्गीय, 1 - अनुसुचीत जमाती) (3 रे फावटी)

(v) अर्थशास्त्र (Economics) ..... 7 पदां (2- हेर मागास वर्गीय, 5 अन-आरक्षीत) 7 पदांतल्यान 1 पद दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (कुड्डेपण आनी उणी दृश्टी) [5- अन-आरक्षीत पदां 4 थे फावटी आनी 2- हेर मागास वर्गियां खातीरचीं पदां 3 रे फावटी**]**

(vi) हिन्दी (Hindi) ..... **4 पदां (1-अनुसुचीत जमाती, 3- अन-आरक्षीत) 4 पदांतल्यान 1 पद दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (कुड्डेपण आनी उणी दृश्टी) [3- अन-आरक्षीत पदां 4 थे फावटी आनी 1- अनुसुचीत जमाती खातीरचें पद 3 रे फावटी]**

(vii) वनस्पतशास्त्र (Botany) ..... 3 पदां (1-हेर मागास वर्गीय, 2- अन-आरक्षीत) 3 पदांतल्यान 1 पद दिव्यांगा खातीर आरक्षीत (हालचाल ना करप्या सयत मेंदवाचो अर्धांगवायू (सेरेब्रल प्लासी), कुश्टरोग पिडीत (लॅप्रोसी क्यूअर्ड), गिड्डो (ड्वार्फीजम), ऍसीड हल्लो पिडीत आनी पेशीय दुर्विकास (2 – अन-आरक्षीत पदां 4 थे फावटी आनी 1- हेर मागास वर्गियां खातीरचें पद 3 रे फावटी)

(viii) रसायनशास्त्र (भौतीक) Chemistry (Physical) ..... 5 पदां (2- हेर मागास वर्गीय, 3- अन-आरक्षीत) [3- अन-आरक्षीत पदां 5 वे फावटी, आनी 2- हेर मागास वर्गियां खातीरचीं पदां, 3 रे फावटी**]**

(ix) गणीत (Mathematics) ..... 1 पद (हेर मागास वर्गीय) (3 रे फावटी)

(x) संगणक शास्त्र (Computer Science) ..... 2 पदां (हेर मागास वर्गीयां खातीर आरक्षीत) (3 रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू.15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें) **पिराय** : 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार बऱ्या शिक्षणीक वावरा सयत संबंदीत विशयांत 55%* गूण वा तत्सम श्रेणींत भारतीय विद्यापिठांतल्यान वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. **(ii)** सहाय्यक प्राध्यापकाचे नेमणुकी खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा **(NET)/** राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा **(SET)** सक्तीची आसतली तथापी, विद्यापीठ अनुदान आयोग नियमन 2009 चे मान्यतायेन (पीएच.डी पदवी

मेळोवपा खातीर किमान प्रमाणन आनी प्रक्रिया) पीएच.डी पदवी प्रदान केल्ल्या उमेदवारांक, महाविद्यालयांत तत्सम स्थान वा सहाय्यक प्राध्यापकाची नेमणूक आनी भरती खातीर **NET/ SET** ची किमान पात्रताय अटीचे आवयश्यकतायेची सूट दितले. **(iii)** कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) संबंदीत विशयांत पीएॅच.डी वा एॅम.फील (ii) मराठीचें गिन्यान.

***पात्रतायेच्या उद्देशान आनी अध्ययन पदाचेर थेट भरती वेळार बऱ्या शिक्षणीक वावराचें मुल्यांकन करूंक अनुसुचीत जाती (SC) /अनुसुचीत जमाती (ST) / हेर मागास वर्गीय (OBC) / दिव्यांग वर्गिंयां खातीर पदवीधर आनी पदव्युत्तर पांवड्यार 5 % सूट दिवंक शकता.**

टीपः दिव्यांग श्रेणींतले उमेदवार उपलब्ध नासल्यार सामान्य श्रेणींतल्यान तितलीच पदां रिक्त दवरतले

VI.गृह खातें (सामान्य)

अग्निशमन आनी आपत्कालीन सेवा संचालनालय

विभागीय अधिकारी ..... 2 पदां (अन-आरक्षीत)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600-39,100+5,400/- **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) 10+2 पांवड्याचेर विज्ञान विशया सयत मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान प्राधान्यतायेन विज्ञान विशयांतली पदवी (ii) राष्ट्रीय अग्नी सेवा महाविद्यालय वा सहयोगी / फायर इंजिनियर इन्स्टिट्यूशनांतल्यान वांगडीपदाचो डिप्लोमा (यू.के) वा तत्सम हातूंतल्यान प्रगत डिप्लोमा (iii) अग्नी सेवेंत 10 वर्सांचो अणभव, तातूंतलीं 5 वर्सां जापसालदारी पदार आसूंक जाय (iv) जड वाहतूक परवानो आसूंक जाय (v) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिकः (i) मराठीचें गिन्यान.

VII. पशूपालन आनी पशुचिकित्सा सेवा संचालनालय

पशुचिकित्सा अधिकारी (Veterinary Officer) .....13 पदां [1- अनुसुचीत जाती, 6 – अनुसुचीत जमाती, 5- हेर मागास वर्गीय, 1- अन-आरक्षीत] (5 वे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 9,300 -34,800+4,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 7 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस उणी.

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i)भारतीय पशुचिकित्सा परिशद कायदो, 1984 (1984 चो केंद्रीय कायदो 52) च्या पयल्या वा दुसऱ्या परिशिश्टान आसपावीत केल्ले प्रमाणें मान्यताय प्राप्त पशूपालन पात्रताय तशेंच गोंय राज्य पशुचिकित्सा परिशदेक नोंदणीकृत आसूंक जाय. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छिक – (i) गोरवां विकास वा कुंकडपालन विकास वा पशुचिकित्सालय चलोवंक अणभव (ii) मराठीचें गिन्यान.

09-12 -2022 दिसा प्रकाशीतः

1) नवहिंद टायम्स
2) हेराल्ड
3) लोकमत
4) भांगरभूंय
5) मुख्य वीज अभियंत्याचें एक पद टायम्स ऑफ इण्डिया (ऑल इण्डिया एडिशन)